# स्वच्छता ही सेवा-अभियानात सहभागी जावपाचो राज्यपालाचो उलो

ता. 15 सप्टेंबर 2017
24 भाद्रपद 1939

राज्यपाल डॉ. श्रीमती मृदुला सिन्हा हांणी 'स्वच्छता ही सेवा' मोहिमेनिमतान दिल्ल्या संदेशात गोंयच्या लोकांनी हया मोहिमेत उमेदीन सहभागी जावन स्वच्छ भारत अभियान चळवळ मजबूत करपाचो उलो मारला. राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटात, देशाचे प्रधानमंत्री श्री. नरेंद्र मोदी हांणी 2 ऑक्टोबर 2014 दीसा स्वच्छ भारत अभियान चालीक लावन देशाच्या इतिहासात नवो अध्याय सुरू केलो. नितळ भारत निर्माण करपाखातीर चालीक लायिल्ले स्वच्छ भारत अभियान ही एक मोठी लोक चळवळ जावन आसा. हया चळवळीतल्यान भलायकी आनी नितळसाणेच्या येवजणांक नवी दिका आनी ऊर्जा मेळळ्या. प्रधानमंत्र्यान स्वच्छ भारत अभियानाखातीर आपली ब्रॅन्ड अँबासेडर म्हुण नेमणूक केल्लेखातीर राज्यपालान खोस उक्तावन हया चळवळीचे उद्दिश्ट पूर्ण करपाखातीर गोंय राज्यात नितळसाणेचो वावर नेटान चालू आशिल्ल्याचे म्हटला. महात्मा गांधीजीन आपल्या जीणेत नितळसाणेक खूप म्हत्व दिले. नितळसाणेचो वावर करप म्हळयार देवाची सेवा करप अशें ते मानताले. स्वच्छ भारत ही बापूखातीर खरी आदरांजली थारतली, अशें राज्यपाल म्हणटात.

राज्यपाल फुडें म्हणटात, देशाच्या प्रधानमंत्र्यान 15 सप्टेंबर 2017 ते 2 ऑक्टोंबर 2017 मेरेन स्वच्छता ही सेवा-मोहिमेची घोशणा केल्या. हया मोहिमेची सुरूवात करतना प्रधानमंत्र्यांनी देशातल्या जनतेक मोठया उमेदीन आनी निर्धारान हे चळवळीत सहभागी जावपाचो आनी 2 ऑक्टोबराक गांधी जयंती दीसा 'आमी फकत आमच्या जीणेचो एक भाग म्हूण नितळसाण करचे ना, तर आमी नितळसाणेखातीर जगतले' म्हणपाचो सोपूत घेवपाचो उलो मारला. मन, कुड आनी विचाराची शुध्दताय निरोगी आनी सर्वकश जीणेखातीर म्हत्वाची आसा.

राज्यपाल फुडें म्हणटात, हया मोहिमेत न्हय फकत सरकारी यंत्रणांनी जाल्यार सगळया घटकांनी हातभार लावन नितळसाणेचो संदेश दिवचो. आपवावूरवी संस्था, शाळा, महाविद्यालयां, राजकीय फुडारी, वेवसायिक आनी हेरांनी 15 सप्टेंबर ते 2 ऑक्टोबराच्या काळात स्वच्छता उपक्रमांनी सहभागी जावन सबंद देशात स्वच्छ वातावरण निर्माण करपाक योगदान दिवपाचो राज्यपालान उलो मारला.

स्वच्छता ही आमची परंपरा आनी प्रत्येकाच्या जीणेत तिका म्हत्व आसा. आमका ल्हानपणासावन शाळेतल्यान स्वच्छतेचे म्हत्व शिकयतात. ते खातीर स्वच्छता ही सेवा-मोहिमेतल्यान नितळसाणेच्या पारंपारिक भावनेक उजाळो दिवपाची गरज आसा. गोंय हे भारतातले नितळ राज्य करून हेराक आदर्श घालून दिवपाक जाय. गोंय हे पर्यटकांचे आकर्शण जावन आसा आनी राज्यात लाखांनी पर्यटक भेट दितात, ते खातीर नितळसाणेक

म्हत्व आसा. गोंयात भेट दिवपी पर्यटकानीय नितळसाण दवरपाखातीर सहकार्य करपाचो उलो राज्यपालान मारला.